

# ॥ अथ श्रीसाईसच्चरीत ॥ अध्याय ६ ॥

॥ श्रीगणेशाय नमः ॥ श्रीसरस्वत्यै नमः ॥ श्रीगुरूभ्यो नमः ॥ श्रीकुलदेवतायै नमः ॥ श्रीसीतारामचंद्राभ्यो नमः ॥ श्रीसद्गुरूसाईनाथाय नमः ॥ आसूं परमार्थांत वा संवसारांत । जंय सद्गुरू कर्णधार आसतात । तेच तारूं पलतडी व्हरतात । देंवयतात योग्य जाग्यार ॥१॥ ‘सद्गुरू’ उतर मनांत येतकूच । पयलो उगडास जाता साईंचोच । प्रत्यक्ष मुखार उबो रावता तोच । दवरता माथ्यार हात आपलो ॥२॥ धुनींतले उदी सयत । दवरता जेन्ना मस्तकार हात । येता खोसयेचे उमाळे काळजांत । प्रेम उपाट दोळ्यांतल्यान ॥३॥ नवल गुरूहाताच्या स्पर्शाचें लक्षण । प्रलयाच्या उज्यांतूय जो वचना जळून । त्या सुक्षीम देहाचें करता ज्वलन । जाता भस्म स्पर्शानूच हाताच्या ॥४॥ चुकोवन देवाची कथा वार्ता । तकली जाची रोखडीच भडकता । तोंडांतल्यान वायट उतर येता । ताकाय मेळची स्थिरताय ॥५॥ माथ्यार दवरतकूच करकमल । अनेक जल्मांचो दाटिल्लो मळ । वता धुवन जाता निर्मळ । भक्त प्रेमळ श्रीसाईंचे ॥६॥ रूप तें गोमटें पळोवन । कंठ दाट्टा परमानंदान । दोळ्यांत खोसयेक पाजर फुटून । दाट्टा काळजांत अश्टभाव ॥७॥ सोहंभावाक जागयत । निजानंद प्रगट करीत । जाग्यारूच अहंकार विरगळायत । मिरयता अद्वैत ब्रह्मानंदान ॥८॥ वतकूच वाचपाक पोथीपुराण । पावला पावलार सद्गुरूचें स्मरण । श्रीसाईच दिसता जसो रामकृष्ण । सांगता चरीत स्वताच आपलें ॥९॥ बसतकूच आयकुपाक भागवत । साईच पुराय कृष्णा भशेन दिसत । दिसता गायतात ते उद्धवगीत । साध्य करूंक हीत भक्तांचें ॥१०॥ बसचें सहज करूंक वार्ता । थंयसरूय साईनाथांचीच कथा । अचकीतूच मनांत

स्मरता । दिवपाक योग्य दृश्टांत ॥११॥ घेवन कागद बरोवंचें म्हणल्यार । येना जुळून एकूय अक्षर । पूण तोच जेन्ना बरयता आपले तांकीचेर । सोंपून सोंपना बरोवन ॥१२॥ अहंकार जेन्ना उफाळून येत । ताका आपल्या हातांनी चिड्डीत । वयल्यान करून आपलो शक्तीपात । करीत कृतार्थ ते शिश्याक ॥१३॥ काया वाचा मनांतल्यान । घालतकूच साईनाथांक लोटांगण । धर्म अर्थ काम मोक्ष एक जावन । मेळटात हातांत मागिनासतना ॥१४॥ कर्म ज्ञान योग भक्ती । ह्या चार मार्गांनी ईश्वरप्राप्ती । चौगूय जरी चार वाटांचे सांगाती । तरीय पावयतात निजस्थानार ॥१५॥ भक्ती ही कांट्यांखुंट्यांची वाट । खांची खळग्यांनी भरल्या उपाट । तरीय वतकूच तीच माड्डीत । व्हरता परमेश्वरा लागीं तीच ॥१६॥ कांटे चुकोवन घालात पांय । होच एक सोंपो उपाय । जाल्यारूच निजधामाक पावतले असुदाय । सांगता खात्रीन हें गुरुमाय ॥१७॥ मनाचे मळे जेन्ना भक्तीन शिंपले । वैराग्य फुलयता ज्ञान फुलांचे मळे । कैवल्याचीं फळां [1]चित्तसुखाचे उमाळे । चुकलें जल्ममरण अचूक ॥१८॥ मूळ परमात्मो स्वयंसिद्ध । तीन तरांचो तोच सच्चिदानंद । उपाधी योगान जालो [2]प्रबुद्ध । प्रगट बोध भक्तांक ॥१९॥ जसो तो ह्या त्रिगुणांत व्यक्त । मायाय जावन क्रियाप्रयुक्त । सत्व रज तम चाळयत । करता सुव्यक्त गूण आपले ॥२०॥ मातयेक खाशेलो आकार । ताकाच नांव मडकें साचार । मडकें फुट्टकूच नांव रूप विकार । वतात विरगळून पुरायेन ॥२१॥ अखील जग हें मायेपासाव । एकामेकांक कार्यकारणभाव । मायाच प्रत्यक्ष [3]सावयव । जावन प्रगटल्या जगरुपांत ॥२२॥ जगा आदीं मायेची स्थिती । पळोवंक गेल्यार ना व्यक्ती । परमात्मरुपांत जावन लीन ती । एकठावल्या अदृश्य रुपांत ॥२३॥ व्यक्त जातनाय परमात्मरूप । अव्यक्त तरीय परमात्मरूप । सारांश ही माया परमात्मरूप । अभेदरूप

---

१. ज्ञानमय खोस. २. विद्वान. ३. अवयवां सयत.

परमात्म्यांत ॥२४॥ तमोगुणा पसून मायेन । केले जडपदार्थ निर्माण । निर्जीव हालचाल [१]शुन्य । क्रिया पूर्ण ही पयली ॥२५॥ मागीर मायेच्या रजोगुणांत । परमात्मचिद्‌गूण जेन्ना भरसतात । चैतन्याच्यो खणी उगडटात । सभावगुणांत दोगांयच्या ॥२६॥ फुडें हे मायेचो सत्वगूण । करता बुद्धितत्व निर्माण । थंय परमात्म्याचो आनंदगूण । भरसतकूच येता पूर्णताय खेळाक ॥२७॥ सारांश माया महाविकारी । क्रिया उपाधी जे मेरेन न स्विकारी । येना जेन्ना मेरेन पदार्थरुपीं । अव्यक्त ते मेरेन त्रिगूण ॥२८॥ गुणाक सोबसारक्यो कांय क्रिया । केल्योनात जाल्यार व्यक्त ना माया । रावपाक शकता रुपांत अदृश्या । स्वता जेन्ना करता सेवन [२]अक्रियत्व ॥२९॥ माया कार्य परमात्म्याचें । जग हें कार्य ते मायेचें । ''सर्वं खल्विंद ब्रह्म''त्वाचें । एकवट तिगांयचो तो होच ॥३०॥ अशे जे हे अभेद [३]प्रतीत । कशे तरेन खात्रीन मेळत । अशी उमळशीक जाच्या मनांत । पळोवची वेद श्रुतींत ॥३१॥ सारासार विचारशक्त । श्रुती स्मृती वेदशास्त्र । गुरू वेदांत वाक्य अणभवत । दिता परमानंद मेळोवन ॥३२॥ ''म्हज्या भक्ताचें सदन । उरचें ना रितें अन्नवस्त्रा वीण'' । साई खात्री दिताले ठामपणान । जाणटात हें भक्त तांचे ॥३३॥ ''म्हाका पुजतले जे अनन्यान । भजतले नित्य तत्पर मनान । तांचो [४]योगक्षेम चलोवप अखंडपणान । प्रतिज्ञा ही म्हजी जाणटां हांव'' ॥३४॥ हेंच भगवद्‌गीतेंतलें वचन । साई म्हणटात मानात प्रमाण । आसची ना अन्नवस्त्राची [५]वाण । म्हणून प्राण खर्चूं नाकात ॥३५॥ देवाच्या दारांत मान जावचो । देवामुखारूच पदर पसरचो । ताचोच प्रसाद मागचो । सोडून अहंकार अभिमान ॥३६॥ कितें लोकांनी मान हालयली । तितल्यान कित्याक भुरळ पडली । आराध्यमुर्ती मनांत विरगळ्ळी । जाय घामान डबडबपाक ॥३७॥ हीच मोख लागूं गोड । सगल्यां इंद्रियांक भक्तीचें [६]वेड । इंद्रीय

१. विरयत. २. क्रिये बगर. ३. अणभव. ४. चरितार्थ, निर्वाह. ५. उणाव. ६. पिर्शे.

विकारांक भक्तीचें [1]मोड । फुटुं दी कोड मागीर ॥३८॥ सदांच अशें भजन घडचें । आनीक कांयच न्हय आवडचें । मन म्हज्या नामस्मरणांत जडचें । विसर पडचो सगल्यांचो ॥३९॥ ना मागीर देह घर वित्तांत । परमानंदांत लागतलें चित्त । मन खुशाल आनी शांत । जातलें परिपूर्ण खात्रीन ॥४०॥ [2]सत्संग केल्ल्याची खूण । वृत्तीक जाय समाधान । सैरभैर घुंवता जें मन । ताका सल्लीन म्हणचें कशें ॥४१॥ तरी आतां दिवन ध्यान । श्रोत्यांनो आयकात भावार्थान । साईचरित्राचें हें निरुपण । भरचें भक्तीन मन तुमचें ॥४२॥ कथा आयकून जातली तृप्ती । चंचल मनाक मेळटली विश्रांती । जातली तळमळ्यांची निवृत्ती । पावतले सुखसमृद्धीक ॥४३॥ आतां फाटले कथेवयल्यान । जीर्ण मशिदीचें उद्धरण । रामजल्माचें कथा किर्तन । व्हरुया निरुपण मुखार ॥४४॥ एक भक्त गोपाळ [3]गुंड । जाका बाबांची भक्ती व्हड । मुखांत सतत नाम अखंड । सारतालो दीस अशे तरेन ॥४५॥ दुख्खी तो भुरगें नासून । फुडें साईंचे सासायेन । मेळळें ताका पुत्ररत्न । जालें खुशाल मन ताचें ॥४६॥ आयलें गोपाळाच्या मनांत । दरवर्सा करची आयोजीत । जात्रा वा उरूस शिरडींत । मेळटली खोशी सगल्यांकूच ॥४७॥ तात्याक तशेंच दादा कोतेक । माधवराव बी मुखेल मानेस्तांक । मानवलो विचार सगल्यांक । लागले तयारेक रोखडेच ॥४८॥ मात ह्या उत्सवाक लागून । आदीं एक नेमाचें बंधन । जिल्ल्याधिकाऱ्याचें अनुमोदन । घेवचें पडटालें सक्तीन ॥४९॥ लागले सगले तयारेक । पूण गांवचो जो [4]कुळकर्णी एक । लागलो आडमेळीं हाडपाक । निरशेलीं मनां सगल्यांचीं ॥५०॥ कुळकर्णी जो आडवो आयलो । पळयात कसो परिणाम जालो । शिरडीक करचो न्हय सुवाळो । आयलो आदेश जिल्ल्याचो ॥५१॥ तरीय जावची जात्रा शिरडींत । बाबांचेंय हेंच [5]मनोगत । आज्ञा पूर्ण आशिर्वादा सयत । दिल्ली

---

१. कोंब. २. पुण्यवान मनशाचो सांगात. ३. हो सर्वेयर आसलो, ताचेर साईबाबांची भोव कृपा आसली. ४. पंचायतींतलो अधिकारी. ५. इत्सा.

आदींच ते खातीर ॥५२॥ ग्रामस्थूय हट्टाक पेटले । जीव मारून यत्न केले । अधिकाऱ्यांचें मन घुंवडायलें । मेळयलो हयकार जात्रेक ॥५३॥ तेन्नाच्यान बाबांचें घेवन मत । करताले रामनमीक जात्रा आयोजीत । तात्या कोते वेवस्था पळयत । भरताली जात्रा प्रचंड ॥५४॥ तेच रामनमीच्या दिसाच्यान । करून विधीयुक्त भजन पुजन । ताशे, चौगुडे घणघणावन । जाली सुरवात जात्रेक ॥५५॥ वर्साक नव्यो घुडयो दोन । मिरवणूक तांची गांवांत काडून । मागीर मशिदीच्या कळसाक बांदून । दवरताले त्यो तश्योच ॥५६॥ तातूंतली एक [१]निमोणकरांची । दुसरी घुडी [२]दामुअण्णांची । काडून मिरवणूक नेटाची । उबल्यो कळसाचेर अभिमानान ॥५७॥ फुडें रामनमीचो उत्सव । उरुसा विशींय कितलो समुद्भाव । आयकात तें कथानक अभिनव । स्वानंदगौरव शिरडीचो ॥५८॥ शके अठराशें तेत्तिसांत । जाली पयली रामनम शिरडींत । आयली उरसांतल्यानूच जल्माक । चल्ली अखंड तेन्नाच्यान ॥५९॥ नामनेचे कृष्ण जागेश्वर भिष्म । थंयच्यान हे कल्पनेचो उगम । करचो रामजल्म उपक्रम । जातलें कल्याण सगल्यांचें ॥६०॥ तेन्ना मेरेन फकत उरसाची । जात्रा भरताली गर्देची । तातूंतल्यानूच रामजल्माची । जाली सुरवात नेटान ॥६१॥ एकदां भिष्म वाड्यांत । बशिल्ले आसतना सुसेगाद । [३]काका पुजा साहित्या सयत । आयले मशिदींत वचपाक ॥६२॥ मनांत साईदर्शनाचो हेत एकूच । उरसा विशींय भक्ती तितलीच । काका एका दिसा आदींच । हजर उत्सवा खातीर शिरडींत ॥६३॥ योग्य वेळ पळोवन । विचारलें काकांक भिष्मान । आसा मनांत एक येवजण । म्हणून जाय आदार तुमचो ॥६४॥ हांगा दर वर्सा भरता उरूस । रामजल्माचो हो दीस । तरी जल्म सुवाळो घडोवपाक । आसा संद बरी ही ॥६५॥ मानवलो काकांक तो विचार । घेयात म्हणलें बाबांचो हयकार । मेळटा तांची आज्ञा जाल्यार । मागीर

---

१. शंकरराव रघुनाथ देशपांडे-तेच नानासाहेब निमोणकर. २. अहमदनगरचे कांसार जातीचे बाबांचे भक्त. ३. लक्ष्मण गणेश (काका) महाजनी.

उशीर ना कार्याक ॥६६॥ पूण उत्सवाक लागतालें किर्तन । जालो उबो तोय प्रस्न । खेडेगांवांत हरदास खंयच्यान । ही एक अडचण उपरासली ॥६७॥ भिष्मान म्हणलें किर्तनकार । तुमी धरात पेटयेचो स्वर । राधाकृष्णाबाई तयार । दितल्यो तीर्थप्रसाद वेळार ॥६८॥ तशें जाल्यार मेळुया बाबांक । 'कळाव' ही आडखळ शुभकार्याक । 'शुभा'क जेन्ना मेळटा 'ताकतीक' । कार्य फळादीक रोखडेंच ॥६९॥ चलात वचुया विचारपाक । मागुया आज्ञा किर्तनाक । लागले ते मशिदीचे वाटेक । पावले वेळार दोगूय ॥७०॥ काका पुजेक आरंभ करीत । बाबाच तेन्ना प्रस्न करीत । कितें चलतालें तुमचें वाड्यांत । सुचलेंना कांयच काकांक ॥७१॥ रोखडोच तोच प्रस्न । मात्सो वेगळे तरेन । कितें सांगताले बुवा म्हणून । विचारलो भिष्माकूय बाबान ॥७२॥ काकांक तेन्ना उगडास जालो । हेत तांणी बाबांक सांगलो । विचार तांच्या मनाक पटलो । थारलें उत्सव करपाचें ॥७३॥ दुसऱ्या दिसा फांतोडेर । बाबा गेले व्हाळाचेर । पाळणो बांदलो माटवा भितर । केली तयारी किर्तनाची ॥७४॥ फुडें वेळारूच श्रोते जमले । बाबा परतले भिष्म उठले । काका येवन पेटयेर बसले । धाडले तांकां आपोवपाक ॥७५॥ ''बाबा आपयतात तुमकां'' । निरोप आयकून भियेले काका । कितें जालें कळना तांकां । भंग कथेचो जावचो न्हय ॥७६॥ निरोप बाबांचो आयकून । काकांक घाम दरदरून । दुखावलें काय बाबांचें मन । किर्तन निर्विघ्न जाल्यार पुरो ॥७७॥ फुडें चलता फाटल्यान पळयता । भियेत भियेत सोंपणां चडटा । पावलां खिणाखिणाक आडखळटा । जाल्ली गत अशी काकांची ॥७८॥ विचारलें तांकां बाबान । दवरला कित्याक थंय पाळणो बांदून । मागीर कथाहेत आनी येवजण । आयकून मनांत धादोसले ॥७९॥ मागीर थंय लागींच निंबर । थंयच्यान घेवन एक हार । घालो काकांच्या गळ्यांत सुंदर । दिलो दुसरो भिष्मांक ॥८०॥ प्रस्न पाळण्याचो आयकून । भियेल्ले सगलेच मनांतल्यान । मात दितकूच हार काडून । सोंपलो

हुसको सगल्यांचो ॥८१॥ भिष्म मुळांतूच [1]बहुश्रूत । अनेक कथांनी [2]पारंगत । किर्तन जालें रसभरीत । धादोसले श्रोते उपाट ॥८२॥ बाबांचेंय मूख प्रसन्न । जशें दिल्लें अनुमोदन । तसोच घेतलो उत्सव करून । भजन किर्तना सांगातान ॥८३॥ रामजल्माच्या सुवाळ्या वेळार । गुलाल बाबांच्या दोळ्यांत भितर । वचून प्रगटले बाबा नरहर । जशे श्रीराम देवळांत कौसल्येच्या ॥८४॥ गुलालाचें फकत निमित्त । रामजल्माचो तो झेत । जातलो अहंकाररुपी रावणाचो अंत । मरतले राकेस वायट वृत्तीचे ॥८५॥ अचकीत आयलो संताप । प्रत्यक्ष नृसिहाचें रूप । घाल्यो गाळी फस्ती खूप । केलो शिंवर आकांताचो ॥८६॥ जातले पाळण्याचे कुडके व्हड । गडबडली [3]राधाकृष्णा मनांत । उरतलो कसो ह्या संकश्टांत धड । पडलो येवन तिचे कडेन ॥८७॥ सोडात सोडात बेगीन सोडात । फाटीक लागतकूच तिचो नेट । पाळणो सोडोवपा पासत । आयले काका मुखार ॥८८॥ तेन्ना बाबा आनीकूय चाळवले । काकांच्या आंगाचेर धांवून गेले । पाळणो सोडोवप थंयच उरलें । आयले वृत्तीचेर बाबाय ॥८९॥ फुडें दनपारां जेन्ना आज्ञा मागीत । बाबान कितें सांगलें आयकात । येन्नाच कित्याक पाळणो सोडटात । आसा गरज अजुनूय ॥९०॥ ही गरज तरी कसली । हेर तरांनी न्हय साई–वचनावली । विचार करतकूच बुद्दी स्फुरली । जालिना समाप्ती उत्सवाची ॥९१॥ इतले मेरेन उत्सव जालो । दुसरो दीस जर ना उजवाडलो । जालोना जर गोपाळकालो । जावचेंना उत्सव सोंपलो म्हणप ॥९२॥ दुसऱ्या दिसा अशे तरेन । जातकूच गोपाळकालो किर्तन । पाळणो सोडयात म्हणून । दिली आज्ञा श्रीसाईंनी ॥९३॥ फुडल्या वर्सा नासले भिष्म । म्हणून बाळाबुवा सातारकरांक । किर्तना खातीर हाडपाक । आसलें

---

१. अनेक विशयांची थोडी थोडी म्हायती आसपी. २. तज्ञ, गिन्यानी. ३. रामजल्माक लागपी पाळणो हे अस्तुरेन दिल्लो.

वचपाचें [१]कवठ्याक ॥९४॥ म्हणून बाळाबुवा भजनी नांवान । नामनेचे ''आधुनीक तुका'' म्हणून । काका महाजनी आयले घेवन । उत्सव केलो तांचे हस्तुकीं ॥९५॥ तेय जर मेळूंक नासले । काकाच किर्तन करतले आसले । आख्यान दासगणून नमीचें रचिल्लें । आसलें तोंडपाठ तांकांय ॥९६॥ तिसऱ्या वर्सा सातारकर । बाळाबुवांचेंच शिरडी भितर । जालें आगमन वेळार । कशें तें आयकात आदरान ॥९७॥ आयकून कीर्त बाबांची । जाली इत्सा दर्शनाची । पूण वाटेक गरज सांगाताची । मेळटलो कसो ही उमळशीक ॥९८॥ बाळाबुवा स्वता किर्तनकार । साताऱ्याक मूळ घर । मुंबयंत परळचो वाठार । राबितो तांचो असलो थंय ॥९९॥ बिऱ्हाड सिद्धकवठे म्हणून । सातारा जिल्ल्यांत देवस्थान । थंय रामनमीचें किर्तन । करताले बुवा वर्सावळीन ॥१००॥ एकादस आषाढांतली । रामनम चैत्रांतली । ह्या दोन उत्सवांची आसली । वर्सावळ बाळाबुवांक ॥१०१॥ [२]बादशाही सनद पळयल्यार । बडे बाबांच्या खर्चा खातीर । रुपया दोनशें चाळीस मागीर । धाडून दिताले संस्थानांत ॥१०२॥ अशी ह्या दोन उत्सवांची । तिनशें रुपया दक्षणां बुवांची । पूण त्या वर्सा कवठ्याक महामारीची । पातळ्ळी धाम गांवभर ॥१०३॥ ताका लागून रामनम उरली । बुवांक थंयच्यान पत्रां पावलीं । गांवाचेर धाम पडली । येवचे फुडल्या वर्सा तुमी ॥१०४॥ सारांश रामाची सेवा चुकली । दक्षणांय थंयच उरली । शिरडी वचपाची संद चुकली । घेतली भेट दीक्षितांची ॥१०५॥ दीक्षित बाबांचे परम भक्त । शिरडी वचपाचो विचार करीत । पूर्ण जायत तांणी हाडल्यार मनांत । सुवार्थ परमार्थ जातलो साध्य ॥१०६॥ सांगलें तशें तांणी दीक्षितांक । वर्सावळ अंदू चुकल्याच । दिसता वच्चें बाबांच्या दर्शनाक ।

---

१. 'बिऱ्हाड सिद्धकवठे' म्हणून सातारा जिल्ल्यांत एक गांव आसा. थंयचे रामनमीक दर वर्सा हे बुवा किर्तन करताले. २. ही सनद अकबर बादशा पसूनची. तो खर्च आनी शिवरातीच्या उत्सवाचो खर्च हांचे सयत ह्या देवस्थानाचो हेर सगलो खर्च उत्सवा वेळार सांगली संस्थाना वतीन करतात अशें कळटा.

करचें किर्तन थंयच ॥१०७॥ भाऊसाहेबान तेन्ना म्हणलें । दक्षणेचें कांयच ना खरें । दिवप, ना दिवप बाबांच्या हातांत सगलें । मेळटली मान्यताय किर्तनाक ॥१०८॥ अशें चलिल्लें आसतना उलोवप । काका महाजन येवन अचकीत । शिरडी प्रसाद उदी वाटीत । शुभशकुनूच जसो कितें ॥१०९॥ त्याच वेळार महाजन । आयिल्ले आसले शिरडीच्यान । खबर चवकशी कळोवन । उपरांत गेले घरा आपल्या ॥११०॥ आसूं, फुडें दीक्षितान । दिलें बुवांक आस्वासन । बाबांची मान्यताय पळयतां मागून । दिली जाल्यार कळयतां खात्रीन ॥१११॥ पत्र येतकूच शिरडीक येवचें । कशें जातलें कितें करचें । चिंतूं नाकात प्रवास खर्चाचें । धरूं नाकात दुबाव मनांत ॥११२॥ आसूं, फुडें दीक्षित गेले । बाबांनी अनुमोदनूय दिलें । बाळाबुवा शिरडीक आयले । धादोसले दर्शनान श्रीसाईंच्या ॥११३॥ बाबांनीय स्वताच्या फुड्यांत सगलो । रामनमीचो पूर्ण सुवाळो । बाळाबुवां कडल्यान करून घेतलो । भोव अपुरबायेन ॥११४॥ बाळाबुवाय धादोसले । येवजिल्लें तें फळादीक जालें । साईय मनांत संतोशले । इत्सा पूर्ण सगल्यांची ॥११५॥ दक्षणांय यथास्तीत । शतोपरी पंचाशत । रुपया घेवपाक आज्ञा दीत । खोस उपाट बुवांक ॥११६॥ जोड कवठ्याची पांच वर्सुकी । एकाच उत्सवांत बाबा हस्तुकीं । मेळटकूच जाले बुवा खोशी । मानले उपकार बाबांचे ॥११७॥ आसूं, फुडें दासगणून । एका दिसा शिरडीक येवन । बाबां कडेन मागणें करून । दिलो मेळोवन तांकां उत्सव वर्सुकी ॥११८॥ तेन्नाच्यान मुखार अखंडपणान । लागले मनोवंक उत्सव नेटान । जेवण म्हाप्रसाद पोट भरून । लागलें मेळपाक म्हारांपोरांक ॥११९॥ समाधेच्या म्हाद्वारांत । मंगल वाद्यांच्या गजरांत । साई नामघोश दिगंतांत । आनंद भरुभरून दाटलो ॥१२०॥ जसो उरसाक वा जात्रेक । तशेंच येवजलें गोपाळ गुंडांक । ते पोरणें मशिदीक । दिवचें रूप सोबीत ॥१२१॥ मशिदीचोय जिर्णोद्धार । आपल्या हातांतल्यान जावचो खरोखर । भक्त

गोपाळ गुंडांचो निर्धार । करून घेतलें तयार पाशाण ।।१२२।। मात हो जिर्णोद्धार योग । नासुये घडये गुंडांक भाग्य । ह्या खासा कार्याचो सुयोग । आयलो फुडें मना सारको ।।१२३।। विचार आसुंये घडये बाबांचे । [1]नानां कडल्यान हें कार्य जावचें । उपरांत बांदकाम चिऱ्यांचें । करपाचें [2]काकांचे हस्तुकीं ।।१२४।। तशेंच फुडें आयलें घडून । आदीं थकले आज्ञा मागून । [3]म्हाळसापतींक मध्यस्थेक घालून । दिली मान्यताय बाबांनीय ।।१२५।। आसूं, जेन्ना मशिदीक । रातयांत घाली फरशी जमनीक । उपरांत मागीर दुसऱ्या दिसाच । बसले बाबा गादयेर ।।१२६।। इकरा वर्सा सभामंडप । तोय आकांताचो [4]खटाटोप । केदो व्हड महाव्याप । भरलें कांपरें सगल्यांक ।।१२७।। तेंय कार्य अशेच तरेन । अशेच सगले परिस्थितीन । केलें पूर्ण भावार्थान । रातयांत असुदाय ।।१२८।। रातचे यत्नांनी खांबे उबारचे । दुसऱ्या दिसा बाबांनी मोडून उडोवचे । संद पळोवन परत बांदचे । चल्लें अशें बरेच दीस ।।१२९।। सगल्यांनी कमर बागोवन । रातीचे दीस करून । घेवचें समाधान मानून । सोंसून कश्ट व्हड ।।१३०।। आदीं थंय उगतें आंगण । आसलें ल्हानशें मैदान । सभामाटवा खातीर योग्य तें स्थान । आयलें मनांत दीक्षितांच्या ।।१३१।। लागता तितलो पयसो घालून । लोखंडी खांबे उबारून । बाबा [5]चावडेर गेल्यात तें पळोवन । व्हेलें काम तडीक ।।१३२।। भक्तांनी रातीचे दीस करून । खांबे उबारचे यत्न करून । आनी येना फुडें चावडे वयल्यान । लागचें बाबांनी

---

१. नानासाहेब चांदोरकर. २. काकासाहेब दीक्षित. ३. शेटीचे ज्ञातींतले बाबांचे एक परम भक्त. ४. धांवधपटी. ५. गांवांतल्या लोकांची भौशीक सुवात. साईबाबा एके रातीं मशिदींत आनी दुसरे रातीं लागींचेच सरकारी चावडेंत रावताले. दुसऱ्या दिसा सकाळीं ते मशिदींत परत येताले. ही तांची सदांची कार्यावळ आसताली. रातीं णव वरांच्या अदमासाक ते भक्तां वांगडा वाजयत गाजयत चावडेंत वताले. ते मशिदीच्या दुरगा भायर सरले म्हणटकूच रातीं ह्या मंटपाच्या कामाक सुरवात जाताली.

मोडपाक ॥१३३॥ एकदां जाल्यार तिडकीच्या भरांत । धरून तात्याची गोमटी हातांत । दुसऱ्या हातान खांबो हालयत । हुमटून उडोवपाक सोदताले ॥१३४॥ हालोवन हालोवन सदळ केलो । [1]तात्याच्या माथ्याचो फेटो काडलो । काडी मारून उजो लायलो । मारलो भिरकावन खळयेंत ॥१३५॥ तेन्नाचे तांचे ते दोळे । दिसले जशे उज्याचे गुळे । प्रत्यक्ष कोण पळयतलो ते [2]वेळे । नासलो धीर कोणाकूच ॥१३६॥ रोखडोच बोल्सांत घालून हात । रुपया एक भायर काडीत । तोय थंयच शेवटून मारीत । केलो प्रत्यक्षांत सुम्हूर्त जसो ॥१३७॥ गाळींफस्तींचो शिंवर जालो । तात्याय सामको कुळकुळ्ळो । प्रसंग भोव कठीण आयलो । घडलो कसलो हो प्रकार ॥१३८॥ लोक सगले अजापले । दुश्चिन्न हें आयज कसलें । विघ्न हें तात्या पाटला वयलें । कशें जायत पयस ॥१३९॥ भागोजी [3]शिंदेन धीर केलो । हळूहळू मुखार गेलो । पूण तोय आयतोच सांपडलो । शेंपलायलो येतिश्ट बाबांनी ॥१४०॥ [4]माधवरावूय हाताक मेळ्ळो । ताकाय विटांचो मार पडलो । जो जो मध्यस्ती करपाक गेलो । मेळ्ळो 'प्रसाद' सगल्यांक ॥१४१॥ बाबां मुखार वतलो कोण । तात्याक सोडयतलो कसो कोण । पूण बाबांचो राग ते मेरेन । न्हिवून शांत जाल्ले ते ॥१४२॥ रोखडोच पसरकाराक आपयलो । जरीचे देगेचो फेटो मागयलो । स्वता तात्याचे तकलेक बांदलो । शिरोभुशणूच दिलें जशें तांकां ॥१४३॥ लोक भोव अजापले । रागाचें ह्या कारण कसलें । कित्याक तात्याचेर हें

---

१. तात्या गणपत कोते पाटील -बायजाबायचो पूत. २. वेळार. ३. बाबांचो परम भक्त. हाका कोड जाल्ल्यान ताच्या वाऱ्याक पसून रावपाक लोक भियेताले. तरीय तो बाबांचो इतलो भक्त आसलो म्हणल्यार बाबा मशिदींत आसताले तेन्ना सदांच सकाळीं ताचे कडल्यान आपल्या हातांपांयांक तळव्या कडल्यान कोंपरा आनी धोंपरा मेरेन तूप घांसून घेताले. तशेंच मशिदी कडल्यान व्हाळा मेरेन वतना सदांच सकाळीं हो एका हातान सत्री आनी दुसऱ्या हातान उदकाचो तांबयो घेवन बाबां वांगडा व्हाळाचेर यो वच करतालो. ४. माधवराव देशपांडे. हांचेर बाबांचो भोव मोग. बाबांक आरे-तुरे म्हूण उलो मारपी हो एकलोच. इतलें तांचे मर्दी लागींपण आसलें.

रागणें असलें । आसतलें घाल्लें बाबांनी ।।१४४।। राग हो कसल्या निमतान । खिणांत पळयल्यार खुशाल चित्तान । हाचे कारण मात कशेंच करून । कळ्ळेंना केन्नाच कोणाक ।।१४५।। खोसयेंत जेन्ना आसताले । प्रेमान कथा काणयो सांगताले । केन्ना केन्ना मात भडकतालें । चित्त अचकीत कारणा बगर ।।१४६।। आसूं, अश्यो ह्यो बाबांच्यो कथा । एक सांगतना दुसरी स्मरता । सांगची खंयची अशें जाता । गोंदळ सगलो मनाचो ।।१४७।। करूंक जायना म्हज्यानूय आवडनिवड । जशी जिका मेळटली सवड । तशी ती श्रोत्यांची आवड । करतली पूर्ण स्वताच ।।१४८।। फुडल्या अध्यायांत आयकात । पूर्वकथन जाणट्याच्या तोंडांत । बाबा हिंदू काय मुसलमान आसात । करुया निरुपण ताचेर ।।१४९।। दक्षणेच्या नांवान पयशे मागून । जिर्णोद्धार कसो घेतलो करून । धोती पोती खंडदुखंड करून । दिताले कशे त्रास कुडीक ।।१५०।। कशे दुसऱ्यां खातीर सोंसताले कश्ट । पयस करीत भक्तां वयलें संकश्ट । फुडल्या अध्यायांत जातलें स्पश्ट । जातले धादोशी श्रोतेय ।।१५१।। संतसज्जनांनो तुमच्या आशिर्वादान । रचिल्लो भक्त हेमाडपंतान । जय अणकारीत श्रीसाईसच्चरितांतल्यान । रामजल्म आदी उत्सव कथन नांवाचो हो सवो अध्याय सोंपता हांगाच ।।

।। श्रीसद्गुरूसाईनाथार्पणमस्तु ।। शुभं भवतु ।।

❍ ❍ ❍